## Panaji Regional 22nd September 2025 7.25am

**PM GST – 210**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी माल आनी सेवा करांतल्या बदलांक फुडले पिळगेंतल्यो सुदारणां अशे म्हळां, जाका लागून अर्थवेवस्था घटमूट जातली आनी देशभरांतल्या मध्यमवर्गीय, तरणाटे आनी गिरायकांक थाकाय मेळटली. काल सांजवेळार देशाक उद्देशून उलोवप करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगले सोमारा नवरात्रेच्या पयल्या दिसा सावन जीएसटी 'बचत उत्सव' सुरु जातलो.

कर दर उणे जाल्ल्यान दिसपट्ट्यो वापराच्यो वस्तू सवाय जातल्यो आनी उपभोगा आदारीत वाड नेटान जातली अशें तांणी सांगलें. जीएसटी सुदारणा ही आत्मनिर्भर भारताच्या दिकेन म्हत्वाचे पावल थारतले अशें तांणी सांगलें.

नवे माल आनी सेवा कराचे दर आयज लागू जातात. 12 टक्के आनी 28 टक्के कर स्लॅब काडल्यात आतां फकत 5 टक्के आनी 18 टक्के कर स्लॅब आसतले. लक्झरी वस्तू सोडल्यार सगळ्यो वस्तू आनी सेवा ह्या दोन स्लॅबांत पडटल्यो.

या सुधारणांक लागून देशाची विकास गाथा बदलतली आनी तरणाटे, नवमध्यम वर्ग, शेतकार, बायलो, आनी उद्देजकांक ह्या बचट उत्सवाचो व्हड फायदो जातलो अशें तांणी सांगलें. राष्ट्राच्या उदरगतीच्या प्रवासांत दरेक राज्य एक समान भागीदार आसतलें हाचेर तांणी भर दिलो.फुडले पिळगेंतल्या जीएसटी सुदारणां, बचत उत्सव आनी नवरात्रा खातीर तांणी राष्ट्राक परबीं दिली.

प्रधानमंत्री मोदी हांणी म्हणलें, अन्नपदार्थ, वखदां, साबण, ब्रश, टूथपेस्ट, भलायकी आनी जीवन विमो आनी हेर खूबश्यो सेवा एकतर करमुक्त आसतल्यो वा फक्त 5% कर आकारतले.

सरकारान कर वेवस्था सोपी केल्या अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें. नागरिक देवो भवः ह्या मंत्रान आपलें सरकार मुखार वता अशें मोदी हांणी सांगलें.

**Mayem – 40**

**मये भौशीक भलायकी केंद्रान काल मये पंचायत हॉलांत आयोजीत केल्ल्या भलायकी शिबिराक नागरिकांचो उत्स्फूर्त प्रतिसाद मेळ्ळो. ह्या शिबिरांत शंबरां परस चड बायलांक आनी भुरग्यांनि फुकट भलायकी सेवांचो लाव घेतलो. ह्या शिबिराचें उक्तावण राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेत तनावाडे हांणी केलें.**

**IFFI – 80**

**२० ते २८ नोव्हेंबर मेरेन गोंयांत जावपा आशिल्ल्या ईफ्फी म्हळ्यार ५६ व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवा खातीर -iffigoa.org ह्या अधिकृत संकेतथळार प्रतिनिधी नोंदणी सुरू जाल्या. फाटल्या वर्सा सुमार १० हजार प्रतिनिधींनी चित्रपट विद्यार्थी म्हूण आनी वेवसायीक म्हूण दरेकीं १२०० प्रतिनिधींनी ह्या महोत्सवा खातीर नोंदणी केल्ली.**

**फिल्म वेवसायीक आनी चित्रपट मोगी लोकांनी जीएसटी सयत १ हजार १८० रुपयां भरून डेलिगेट पास मेळोवपाक अर्ज करूं येता. विद्यार्थ्यांनी लेगीत, प्रतिनिधी म्हूण अर्ज करूं येता. विद्यार्थी नोंदणी खातीर शुल्क आकारचें नात.**

**Prasad – 80**

**फोंडाच्या हॉटेल मिनीनो एक्झिक्युटिवांत दिव्यांगा खातीर गोवा राज्य बुध्दिबळ चॅम्पियनशीप आयोजीत केल्या. ही सर्त आंतरराश्ट्रीय पर्पल फेस्ट गोवा 2025 चो एक भाग म्हणून आयोजित केल्या. ह्या सर्तीचें उक्तावण समाज कल्याण मंत्री सुभाष फळ देसाई हांणी काल केलें. ही सर्त आयतारा 21 ते मंगळारा 23 मेरेन जातली. ह्या कार्यावळीक खास आमंत्रित म्हणून खेळां संचालक डॉ.अजय गावडे, गोवा राज्य बुध्दिबळ असोसिएशन फॉर पर्सन विथ डिसॅबिलिटीजचे अध्यक्ष संजय बेरुरकार, इव्हेंट डायरेक्टर डॉ. केतन भाटीकर. आनी हेर मानेस्त हाजिर अशिल्ले.**

**DIP – 130**

**उत्तर गोंय जिल्लो न्यायदंडाधिकाऱ्यांनी 25 सप्टेंबर 2025 दिसा आयोजीत केल्ल्या विधानसभा अधिवेशन सत्र काळांत पर्वरेच्या विधानसभा प्रकल्पा सरभोंवतणच्या 500 मिटर वाठारांत आनी पणजी पुलीस स्टेशनाच्या वाठारांतली खंयचीय भौशीक सुवात, पायण, गल्ली, रस्तो, चौक वा खंयचेय उकते सुवातेचेर पांच वा चड व्यक्ती एकठांय येवपाक आनी मिरवणूक काडपाक वा आयोजीत करपाक, आर्मां वा लाठीं,तरसादीं, भाले वा सुरा ह्या सारकीं शस्त्रां बाळगुपाक, लावडस्पिकराचो वापर करपाक, घोशणा दिवपाक आनी माराण लावपाक बंदी लागू केल्या.**

**Weather – 20**

**गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 31 degrees celcius आनी उण्यात उणे तापमान 2५ degrees celcius इतले आसतले.**

**Cricket – 20**

**क्रिकेटांत काल रातीं दुबय आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमाचेर जाल्ल्या आशिया कपाच्या सुपर फोर मॅचींत भारतान पाकिस्तानाचेर 6 विकेटींनी घसघशीत जैत जोडले.**